Panaji National 26th May 2025 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज गुजरतातल्या दाहोडांत सुमार 24 हजार कोटी रुपया मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचो शुभारंभ करतले.
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयच्यान तीन दिसांच्या महाराष्ट्र भोंवडेर आसात.
- भारत-मॉलदीव हांचे मदली दुसरी उच्च-स्तरीय कोअर ग्रुप बसका आज जाता.
- भारतीय हवामान खात्यान आज कर्नाटका,केरळ, तमिळनाडू आनी पुडुचेरींत उटनगराच्या पावसाचो अदमास उक्तायला.

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत काल राती जाल्ल्या खेळात सनरायझर्स हैद्राबाद पंगडान कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडाक ११० धावंड्यानी हारयले.

PM Dahod – 195

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज दोन दिसांच्या गुजरात भोंवडेर वतले. ते राज्यात ८२ हजार कोटी रुपया परस चड मोलाचे वेगवेगळे उदरगतीच्या कामांचो शुभारंभ करतले. प्रधानमंत्री आपल्या भेटी वेळार दाहोदात लोकोमोटिव्ह उत्पादन प्रकल्प राष्ट्राक समर्पित करतले आनी इलेक्ट्रीक इंजिनाक पांचवो बावटो दाखयतले. तशेंच दाहोडांत सुमार 24 हजार कोटी रुपया मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचो बुन्याद घालतले आनी उक्तावण करतले. मोदी वेरावाल आनी अहमदाबाद हांचे मदीं वंदे भारत एक्सप्रेस आनी वालसाद आनी दाहोद स्टेशनां मदीं एक्सप्रेस गाडयेक पांचवो बावटो दाखयतले. ते गेजात रूपांतरित जालल्या काटोसन-कलोल विभागाचे उद्घाटन करतले आनी ताचेर एका मालगाडीक पांचवो बावटो दाखयतले. उपरांत प्रधानमंत्री भुजांत वचून 53,400 कोटी रुपया परस चड

मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचे बुन्याद घालतले आनी उक्तावण करतले. आमच्या प्रतिनिधीन दिलल्या खबरा प्रमाण, प्रधानमंत्री मोदी आज वडोदरा आणि भूज हांगा भव्य रोड शो करतले.

आकाशवाणी न्यूजा कडेन उलयतना अस्तंत रेल्वेचे मुखेल जनसंपर्क अधिकारी विनीत अभिषेक हांणी सांगलें, हो उत्पादन प्रकल्प फकत भारताची न्हय तर जगाच्यो लोकोमोटिव्ह गरजो पुराय करतलो आनी जायत्या इंजिनांची निर्यात वेगवेगळ्या आफ्रिकन आनी युरोपीय देशांनी करतले.

MAHA- NAGPUR HM TOUR -

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयच्यान तीन दिसांच्या महाराष्ट्र भोंवडेर आसात. शाह आयज सकाळीं नागपूराक भेट दितले आनी जामठात राष्ट्रीय कॅन्सर इन्स्टिट्यूटांत 'स्वस्ति निवास' चो बुन्याद घालतले. तशेंच मंत्री दनपारां नागपूर जिल्हयांतल्या कामठी ब्लॉकांतल्या चिचोली हांगा राष्ट्रीय न्यायालयीन विज्ञान विद्यापीठ -NFSU नागपूर कॅम्पसाचो बुन्याद घालतले.गृहमंत्र्याच्या नागपूर भेटी खातीर सरकार आनी पुलीस यंत्रणा सज्ज जाल्या. मजगतीं, एनएफएसयूचे संस्थापक कुलगुरू डॉ.जे.एम.व्यास हांणी महाराष्ट्रांत एनएफएसयूचें नवें कॅम्पस स्थापन केल्ल्यान "कुशळ फॉरेंसिक तज्ञांचो" पंगड तयार जातलो अशी म्हायती दिल्या. नागपूर कॅम्पस एनएफएसयूचें 11वें कॅम्पस आनी महाराष्ट्र राज्यांतलें पयलें कॅम्पस आसतलें. नागपूर उपरांत शाह आज नांदेडांत वेगवेगळ्या कार्यावळींक हाजीर रावतले. गृहमंत्री 27 मे दिसा मुंबयक भेट दितले आनी थंय वेगवेगळ्या कार्यावळींक हाजीर रावतले.

**MP- VICE PRESIDENT**

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर आयज मध्य प्रदेशाच्या एका दिसाच्या भोंवडेर वतले. धनखर नरसिंहपूरांत तीन दिसांच्या कृशी उद्योग समागम 2025चे उक्तावण करतले.

**NDA Governance**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल नवी दिल्लींत राष्ट्रीय लोकशाही आघाडी (एनडीए) चे मुख्यमंत्री आनी उपमुख्यमंत्री हांची दीसभर चलपी अधिवेशनाची अध्यक्षता केली. परिशदेंत प्रधानमंत्र्यांनी उदरगतीची गती वाडोवपाची गरज आनी डबल इंजिन सरकाराचे फायदे प्रभावी रित्या लोकांपर्यंत पावोवपाची गरज हाजेर भर दिला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यांनी ते स्वच्छता, आरोग्यसेवा, युवा सक्षमीकरण, शेती, तंत्रगिन्यान ह्या सारक्या मुखेल क्षेत्रांनी घटमूट समन्वय निर्माण करपा विशीं उलयल्ल्याचे सांगले.

भाजपच्या सुशासन खात्यान आयोजीत केल्ले हे उंचेल्या पावडया वेल्या बसकेंत एनडीए शासित राज्यांतल्या सुशासना संबंदीत मुखेल प्रस्नांचेर विचारमंथन करपाचेर भर दिल्लो. एनडीए शासित सगळ्या २० राज्य सरकारांचे वीस मुख्यमंत्री आणि १८ उपमुख्यमंत्र्यांनी ह्या बसकेंत वाटो घेतलो. भाजपा अध्यक्ष जगत प्रकाश नड्डा, गृहमंत्री अमित शाह, संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणीय ह्या विचारविनिमयांत वांटो घेतिल्लो.

**INDIA 4TH WORLD ECONOMY –**

भारतीय अर्थवेवस्था जपानाक फाटीं घालून संवसारांतली चवथी व्हड अर्थवेवस्था जाल्या. नीती आयोगाचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी बी.व्ही.आर. सुब्रह्मण्यम हांणी सांगलें, फुडल्या अडेज ते तीन वर्सांत आतां जर्मनीक फाटीं घालून तिसऱ्या क्रमांकाचेर पावपाक भारत तयार आसा. नीती आयोगाचे धावे गव्हर्निंग काउन्सिल बसके उपरांत उलयतना तांणी सांगलें,आंतरराष्ट्रीय नाणेनिधीच्या आकडेवारी प्रमाण भारत आतां 4 ट्रिलियन डॉलराची अर्थवेवस्था जाल्या. ताणें म्हणलें, फकत अमेरिका, चीन आनी जर्मनीची अर्थवेवस्था भारता परस व्हड आसा.

**ALL PARTY DELEGATION-VISIT -**

काँग्रेसीचो खासदार डॉ शशी थरूर हांच्या फुडारपणा खाला सर्वपक्षीय भारतीय संसदीय शिश्टमंडळ काल गुयाना पावलें. चेड्डी जगन आंतरराष्ट्रीय विमानतळार ह्या शिश्टमंडळाक उमेदीन येवकार दिलो. दहशतवादाविरुद्ध भारताच्या शून्य सहनशीलतेचो स्पष्ट संदेश दिवपा खातीर हें शिश्टमंडळ गुयानाक पावलां. गुयानातल्या भारतीय उच्चायुक्तालयान सोशल मीडिया पोस्टत म्हळां की, दहशतवादाविरुद्धच्या लढाईत भारत दृढ आणि एकजूट आसा.

हाचे भायर एनसीपी शरद पवार गटाची खासदार सुप्रिया सुले हांच्या फुडारपणा खाला आनीक एक सर्वपक्षीय शिश्टमंडळान कताराच्या मुखेल वृत्तपत्रां अल शर्क आनी पेनिनसुला हांच्या संपादकीय पंगडा कडेन -संवाद साधलो. पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या उपरांत घडिल्ल्या घडामोडीं विशीं भारताची भुमिका आनी सीमापार आतंकवादाक आळाबंदा हाडपाचें धोरण ह्या विशी शिष्टमंडळानं तांका माहिती दिली. पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या उपरांत घडिल्ल्या घडामोडीं विशीं भारताची भुमिका आनी शिमेभायर आतंकवादाक आळाबंदा हाडपाचें धोरण तांकां शिश्टमंडळान सांगलें.

**MALDIVES FM VISIT -**

मालदीवचे परराष्ट्र मंत्री डॉ. अब्दुल्ला खलील काल तीन दिसांच्या भारत भेटर नवी दिल्लीत पावले. अंदू डॉ.खलील हांची ही तिसरी भारत भेट. ताचे आदीं जानेवारी आनी मार्च म्हयन्यांत तांणी भारताक भेट दिल्ली. भारत आणि मालदीव हांच्यातल्या  उच्चस्तरीय राजकीय देवाणघेवाणीचो भाग म्हणून ही भेटजाता. आयज डॉ.खलील भारत-मॉलदीव हांचे मदीं जावपी दुसऱ्या उच्च-स्तरीय कोअर ग्रुप बसकेंत वांटो घेतले. मालदीवचे परराष्ट्र मंत्री डॉ. खलील, परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांच्या बरोबर द्विपक्षीय चर्चा करतले.

**FPI –**

मे म्हयन्यांत आतां मेरेन परकी गुंतवणूकदारांनी भारतीय इक्विटी बाजारांत सुमार 14 हजार कोटी रुपयाची गुंतवणूक केल्या. डिपॉझिटरींच्या आंकड्यां प्रमाण परकी पोर्टफोलियो गुंतवणूकदारांनी वा एफपीआय हांणी इक्विटी बाजारांत 13,835 कोटी रुपयांची गुंतवणूक केल्या पूण मे म्हयन्यांत आतां मेरेन रिणाच्या बाजारांतल्यान 7,743 कोटी रुपया काडल्यात.

IMD –

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आज कर्नाटकच्या दर्या देगेर आणि दक्षिण भितरल्या वाठारांनी मुसळधार पावसाचो अदमास उक्तायला. अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर, कोंकण, गोंय आनी महाराष्ट्रांतय आयज पावस पडूं येता. फुडल्या दोन-तीन दिसांत दिल्ली, आंध्र प्रदेश, गुजरात, हरियाणा, चंडीगढ, हिमाचल प्रदेश, झारखंड, पंजाब आनी राजस्थानांत गडगड आनी खर वारें मारपाची शक्यताय आसा. आयज अरुणाचल प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी गडगड आनी जोगला मारपाची शक्यताय आसा, जाल्यार राजस्थानांत कालोराची  ल्हारां आनी धुल्लाचे वादळ येवपाची शक्यताय आसा.

आयपीएल -

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती जाल्ल्या खेळात सनरायझर्स हैद्राबाद पंगडान कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडाक ११० धावंड्यानी हारयले. दिल्लीतल्या अरुण जेटली स्टेडियमात हो खेळ जालो.

ते आधी जाल्ल्या आनीक एका खेळात चेन्नई सुपर किंग्ज पंगडान गुजरात टायटन्स पंगडाक ८३ धावंड्यांनी हारयले.

आयज जयपूरातल्या सवाई मानसिंग स्टेडियमात पंजाब किंग्ज पंगड मुंबई इंडियन्स पंगडा आड खेळतलो. हो खेळ सांजे ७.३०क सुरू जातलो.